# माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप

आता आमी ह्या अधिवेशनाच्या शेवटच्या पावण्याचेर उबे आसात. आता ह्या अधिवेशनाचो समारोप करतात. हे अधिवेशन २२ जुलै २०१४, ह्या दिसा सुरु जाल्ले. एकूण २१ बैठको जाल्यो आनी तांतुन १३५ वरां आनी ३०मि.च्या कालावधीन आमी सभागृहान महत्वाचे, परिणामकारक आनी अर्थपूर्ण अशे कामकाज केले.

ह्या विधानसभेच्या पासून आमी ई-विधानसभा किंवा पेपरलेस किंवा कागदमुक्त विभानसभा ह्यो प्रक्रिया फुडे चालीक लायल्यो. ह्या अधिवेशनात ५७ टक्के सदस्यांनी आपले प्रश्न ऑनलायन धाडले. ह्या अधिवेशनाच्या काळान, १,०८९ तारांकित आनी २,२१६ अतारांकित अशें एकूण ३,३०५ प्रश्नांखातीर सुचना आयल्यो. तातुतल्यान १,५०५ प्रश्न सदस्यांनी ऑनलायन धाडल्यात. ८४० तारांकित प्रश्न स्वीकारले आनी १०५ तारांकित प्रश्नांक तोंडी जाप दिली. उरील्ले ७३५ तारांकित आनी २,२१६ अतारांकित प्रश्नांच्यो जापो सभागृहाच्या पटलाचेर दवरल्यो. ७ तारांकित आनी ६ अतारांकित प्रश्न फुडल्या अधिवेशनाखातीर फुडे धुकल्ले. फाटल्या अधिवेशनातले ६ तारांकित आनी ८ अतारांकित प्रश्न ह्या अधिवेशनान आमी घेतले. ई-विधानसभा म्हणता तेन्ना सगळया प्रश्नांच्यो जापो तशेंच कामकाजाची जोड म्हायती विधानसभेच्या संकेतस्थळाचेर आमी अपलोड केली. कागदमुक्त विधानसभा करपाचे दिशेन गोंय विधानसभेंचे हे इतिहासीक अशें पावल आसले. ई-कामकाजाची सदस्यांक सवय जावची म्हण खासा प्रशिक्षण दिले. विधानसभेच्या कामकाजाची म्हायती विधानसभेच्या संकेतस्थळाचेर अपलोड केल्या कारणान सामान्य मनश्याक लेगीत ही म्हायती खंयच्या वेळार पळोवपाक मेळटा. आमी पेपरलेस विधानसभा संबंध देशभरान पयली केली असो दावो करीनात पूण कांय वर्तमानपत्रांनी हिमाचल प्रदेशान अश्यापध्दतची एक विधानसभा पेपरलेस जाली असो प्रश्न काही वर्तमानपत्रांनी काडलो. ज्यावेळार हिमाचल प्रदेशाची

विधानसभा सुरू जाली त्यावेळार थंयच्या सभापतीन तसो दावो केलो. ताच्याखातीर काही न्यूज चॅनलानी म्हजेकडे संपर्क केलो आनी तुमचे हाचेर कितें म्हणणे आसा कांय म्हणून विचारले. हांवेन सांगले माका ह्या वादान पडपाचे ना. आमी कितें काम केल्ले आसा ते तुमच्यासमोर आसा. ताचे एन.डी.टि.व्ही. न्यूज चॅनल जे आशिल्ले तांचे म्हणणे आशिल्ले कि तुमची गोंयची विधानसभा ही खऱ्या अर्थान देशातली ई- विधानसभा जाल्ली आसा आनी म्हणून आमकां तुमचेर स्टोरी करपाची आसा. हांवे म्हटले आमकां अशी स्टोरी करपाची ना. देशाच्या खंयच्याय भागान अशी ई- विधानसभा जाल्ली आसत जाल्यार आमी तांचे अभिनंदन करतात.

कामकाज सल्लागार समितीचो दुसरो अहवाल (२०१४) सभागृहा मुखार मांडून आमी संमत केलो. भारताचे कॉम्प्ट्रोलर आनी महालेखपाल हांच्या २००६-२००७, २००७-२००८, २००८-२००९ आनी २००९-२०१० वर्साच्या अहवालाचेर एकोणसत्तर, सत्तर, एकात्तर आनी ब्यात्तरावो भौशीक लेखा समितीचो अहवाल सभाघराच्या पटलाचेर मांडलो. नियम समितीचो पयलो अहवाल (२०१४) सभागृहामुखार मांडून तो संमत केलो.

नियम ६४ खाला खाण ह्या विशयाचेर अल्प कालावधी चर्चा ह्या विधानसभेन पयलेच फावट जाली.

ह्या अधिवेशनान, १२ शोक निर्देशक सुचना, ६ शोक प्रस्ताव आनी २१ अभिनंदनाचे प्रस्ताव आयले ते सभागृहान एकमतान संमत केले.

ह्या भायर, सरकाराकडल्यान १२७ कागदपत्रा सभागृहा मुखार दवरली. १८ लक्षवेधी सुचना आनी ३४ शुन्यकालाचे उल्लेख ह्या अधिवेशनान आयले. हक्कभंग समितीकडे एक विशय सुपूर्त केलो आसा.

विधानसभा गॅलरीतल्यान विधानसभेचे कामकाज पळोवपा खातीर श्री. हेमचंद्र सिंग, माननीय भौशीक भलायकी अभियांत्रीक, कामगार आनी रोजगार मंत्री आनी मणीपुर विधानसभेच्या आदले सभापती ते हांगासर उपस्थितीत आसले तांची सभागृहान नोंद घेतली.

सभागृहान संमत केलेल्या ६ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्याचे सभागृहाच्या निदर्शनाक हाडले. सरकारी १३ विधेयकां सभागृहा मुखार मांडून, विचार करुन संमत केली आनी खाजगी विधेयकां सभागृहा समोर आयली. एक सरकारी विधेयक चिकित्सा समितीकडे सुपूर्द केले.

माननीय सदस्यां कडल्यान १५ खाजगी प्रस्ताव आयले, हातुतल्यान १ प्रस्तावाचेर सभागृहान सर्वसंमतीन मंजूरी दिली, ११ प्रस्तावांचेर चर्चा जावन सदस्यांनी सरकाराकडल्यान योग्य आश्वासना नंतर सभागृहाची अनुमती घेवन ते प्रस्ताव फाटी घेतले आनी सभागृहांत वांगडी हजर नाशिल्ल्यान ३ प्रस्ताव सभागृहामुखार येवक ना.

आर्थिक कामकाजाबद्दल सांगपाचे जाल्यार, २२, २३ आनी २४ जुलै,२०१४ ह्या दिसा २०१४-२०१५ ह्या वर्साखातीर गोंय राज्याच्या अर्थसंकल्पाचेर सर्वसाधारण चर्चा जाली. ८२ कपात प्रस्ताव आशिल्ले जाचेर चर्चा जावन मतदान जाले आनी ते न्हयकारले आनी २०१४-२०१५ वर्साखातीरच्या ८५ अनुदान मागण्यांचेर चर्चा जावन सभागृहात मतदान जाले आनी हाकालागून - गोंय विनिमय, विनियोग (क्र.२) विधेयक,२०१४, २०१४-२०१५ (पयलो ग़ट) ह्या खातीरच्या अर्थसंकल्पा संदर्भात आमी विधेयक सादर केले, मानून घेतले आनी मंजूर केले.

अनुदानित पुरवणी मागण्यो २०१४-२०१५ (पयलो ग़ट) सभागृहा मुखार मांडलो. तांचेर विचार विनिमय जावन सभागृहान त्यों संमत केल्यो. ताज्याच अनुशंगान गोंय विनिमय (क्र.३) विधेयक, २०१४ मांडून, विचार करुन सभागृहान ते संमत केले.

ह्या प्रसंगाच्या वेळार काही गोष्टी आमच्या सगळ्याच सदस्यांच्या लक्षान हाडुन दिवपाक जाय अशें माका दिसता. आमी आता विधानसभेचे अधिवेशन किंवा आमचो कार्यकाळ आसा तो अडिज वर्सांचेर पाविल्लो आसा. तशे म्हणपाक गेले जाल्यार अर्धेकडे पावल्यात आनी आता आमी फाटी वळून पळोवपाक हरकत ना. हांवे जर फाटी वळून पळयले जाल्यार अशें दिसपाक लागले कि आमच्या विधानसभेच्या एकंदरीत कामकाजाचो दर्जो सुधारला कांय कमी जाला हाची आमकां सगळ्याकूच म्हज्या सयत सगळ्याकूच आत्म परिक्षण करपाची गरज आसा. कोण भायल्यान आमच्याबद्दल जे उलयतात ते तितलेशे बरे मत आसना. हे मत सुधारपाक जाय जाल्यार ताका आमीच कारणीभूत आसतात. म्हज्या उजव्या सायडीक बशिल्ले सरकार पक्षातले आसत किंवा डाव्या सायडीक आशिल्ले विरोधी बाकाचेर बशिल्ले आसत. सगळे सदस्य हे म्हजे सदस्य हांगासर आसतात. पूण तांतुतल्यान काही किल्मीष निर्माण करपाचो कांय प्रयत्न आमी करतात अशें दिसता. सगळ्या सदस्यांनी मनान एक जाणून घेवपाक जाय कि आमी सगळे जाण हांगासर येतात ते कामकाज सुरळीत चलोवपाखातीर येतात. कामकाज बंद करपाखातीर न्हय. आमकां लोकांनी निवडून दिल्ल्याक आयज आमचो अर्धो टर्म सोपिल्लो आसा जाल्यार आयज आमी निश्चीतपणान फाटी वळून पळोवया. आनी येणाऱ्या अधिवेशनान आमची एकंदरीत वागणूक, आमचो प्रश्न करपाचो एकदंरीत दर्जो हो सुधारतलो अश्यापध्दतीची वर्तवणूक दवरूया.

हे अधिवेशन सगळ्यावून व्हडले अधिवेशन आमच्या गोंयच्या विधानसभेच्या इतिहासातले आसले ते अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे नेते श्री. मनोहर पर्रीकर, हांचो खुब मोठे

योगदान आसा. तशेच आमच्या सगळ्यांचे जेष्ठ सदस्य आनी विरोधी पक्ष नेते श्री. प्रतापसिंग राणे हाचे वेळोवेळी योगदान आनी मार्गदर्शन जाल्ले आसा ते पळोवन खुब आनंद जाता. माननिय उपसभापती श्री. अनंत शेट, हांचोय हे अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर खुप मोठो वाटो आसा म्हणून हांव ह्या सगळ्यांक मनापासून धन्यवाद दिता. सगळे मंत्री, वेगवेगळ्या पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे माननिय आमदार हे म्हजे सहकारी मित्र आसात. ह्या सहकाऱ्यांचे माका जे सहकार्य मेळले ते अत्यंत उपयुक्त आनी खुप मोलाचे आसले, हांव तांकाय धन्यवाद दिता. तांच्या सहकार्या शिवाय हे अधिवेशन यशस्वी जावचेच नाशिल्ले.

विधिमंडळाचे सचिव, अन्य अधिकारी आनी विधानसभचे सगळे कर्मचारी हांचेय हांव आभार मानता. मुख्य सचिव गोवा सरकारचे आनी गोवा सरकाराच्या विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकाय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता. खास करुन सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरुन जांणी आमची काळजी घेतली त्या पोलीस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. कांय सदस्यांनी आमच्या हांगासरल्या सुरक्षा विशयी चिंत्ता व्यक्त केली, ताची हांगा गरज नाशिल्ली. तरीसुध्दा आमची बहुतेक करून सप्टेंबर पर्यंत सुरक्षा व्यवस्थेन बदल जावपाचो आसा. ताचेर चड हांव सांगना. वर्तमानपत्रां आनी टी. व्ही. चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या प्रतिनीधिंनी आमकां भरपूर सहकार्य दिल्ले आसा. हांव तांचोय आभारी आसा. आमच्यो हांगासरल्यो बातम्यो देशभर पावोवपाखातीर म्हणून भायल्यान आयिल्ले पत्रकार आसत किंवा तांचे हांगासर आशिल्ले प्रतिनिधी आसत तांच्यानी आमकां भरपूर मदत केल्ली आसा म्हणून गोंयच्या तशेच राष्ट्रीय स्थरावयल्या सगळ्या पत्रकारांक हांव मनातल्यान धन्यवाद दिता.

आमी सगळेजाण आता राष्ट्रगिता खातीर उबे रावूया.

हांव आता हे  सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

(House was adjourned at 7.26 P.M. sine-die)